## मुख्यमंत्र्यान डॉ. टी. बी. कुन्हा हांच्या उगडासाक आर्गां ओंपलीं

ता. 26 सप्टेंबर 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंय मुक्ती चळवळीचे जनक सर्गेस्त डॉ. टी.बी. कुन्हा हांच्या उगडासाक आर्गां ओंपलीं. सर्गेस्त डॉ. टी.बी. कुन्हा हांच्या पुण्यतिथी दिसा पणजेच्या आझाद मैदानाचेर आयोजीत कार्यक्रमात मुख्यमंत्र्यान हेर मानेस्तांसयत गोंयच्या म्हान फुडाऱ्याक पुष्पांजली ओंपलीं.

वीज मंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर, शिश्टाचार सचीव श्री. संजीव गडकर, सहकार सचीव श्री. यतिन्द्र मराळकर, आदिवासी कल्याण सचीव चेष्टा यादव, शिक्षण सचीव श्री. प्रसाद लोलयेकर, नुस्तेमारी सचीव प्रसन्ना आचार्य, उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकीत यादव, गोंय, दमण दीव स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. रोहिदास नाईक देसाय आनी हेर मानेस्तांनीय सर्गेस्त डॉ. कुन्हा हांच्या उगडासाक आर्गां ओंपलीं

पुलीस बॅण्ड पंगडान लास्ट पोस्टची धून वाजोवन मानवंदना दिली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/790

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.